## नाविकांक कळोवणी

ता. 18 ऑक्टोबर 2024

20 ऑक्टोबर दिसा सकाळी 6.30 ते 9.00 वरां मजगती जुवारी न्हंयत सिदा दे गोवा लागी हवाई बीच, दोनापावला ते वांयगिणी बीच वाठारांत पेंवपा सर्त जातली. ते खातीर जुवारी न्हंयत वयल्या वाठारांत येरादारी करपी सगळ्यों बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी पेंवपा सर्तीक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/583

--
---------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.